# <u>राज्यपालाकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं</u>

ता. 4 सप्टेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी शिक्षक दिसानिमतान गोंयच्या शिक्षक वर्गाक परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, 5 सप्टेंबराक मनोवपात येवपी शिक्षक दिसाच्या म्हत्वाच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या शिक्षक वर्गाक म्हजी हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

हो दीस डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या जयंती दिसा मनयतात, जे आमच्या देशाचे एक म्हान  शिक्षक तशेंच राजकारणी आनी तत्वज्ञानी आशिल्लें. तांची जीण आनी उतरां देशातल्या समस्त शिक्षक वर्गाक प्रेरणा जावन आसात. तांच्या उतरांनी सांगपाचें जाल्यार, 'भव्य इमारतीं आनी साधनां ही म्हान शिक्षकांचो जागो घेवपाक शकना'.

शिक्षकी पेशा हो उदात्त पेशा जावन आसा. आमच्या समाजात परंपरेन शिक्षकांक उच्च आदर आनी मानसन्मान आसा. भारतीय शिक्षण पद्दतीत शिक्षकाक परंपरेन गुरू म्हणटात. म्हान संत कबीर म्हणटा, शिक्षक हो कुमारा सारखो, जो मडके तयार करतना मातयेतले फातर काडपा वांगडाच मडके तयार करता, कांय वेळार मडक्याक योग्य आकार दिवपाक कठीण जाता. ही उतरां शिक्षक आनी कुमारा मदल्या नात्याचो सारांश सांगता.

शिक्षण म्हळ्यार विद्यार्थ्यांक न्हय फकत ज्ञान आनी कुशळटाय दिवप, पुण विस्तृत पणान सांगपाचें जाल्यार कवळ्यां मनां-काळजांची सदगुणी आनी सकारात्मक मनशात जडणघडण करप, जी गुणसंपन्न आनी सलोख्याची जीण जगपाक शकतली. राष्ट्राचो विकास आनी भरभराट शिक्षण पद्दतीचेर निंबून आसा. शिक्षक आपले ज्ञान, कुशळटाय, जापसालदारकी आनी एकात्मतेच्या भावनेन ह्या राष्ट्रीय वावराक म्हत्वाचे योगदान दिवपाक शकता.

आयज आमचो देश स्वतंत्रतायेचे 75वे वर्स जाल्यार  गोंय आपल्या मुक्तीचे 60वे वर्स मनयता. आमचो देश आता आत्मनिर्भर भारतासयत न्यु इंडिया चे उद्दीश्ट साध्य करपाच्या मार्गान वाटचाल करता. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण-2020 त शिक्षकांक प्रेरणा दिवपाचेर आनी सशक्तीकरणाचेर भर दिल्लो आसून हे उद्दीश्ट साध्य करपाक म्हत्वाचे थारतले.

कोवीड म्हामारीच्या काळांत ऑनलायन वर्ग घेवपाखातीर आवश्यक तंत्रज्ञान आत्मसात केल्लेखातीर शिक्षक वर्गाचे अभिनंदन करतना , ह्या शिक्षक दिसाच्या प्रसंगार हांव शिक्षक वर्गाक वेवसायिक गुणवत्तेचो उच्च दर्जो मेळोवपाक आनी राष्ट्रीय शिक्षण धोरण सत्यात हांडपा खातीर समर्पितपणान काम करपाचो उलो मारता, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/749

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji